# उत्कृश्ट ग्रंथालय आनी ग्रंथपाल पुरस्कांर जाहिर

ता. 6 मे 2022

कला आनी संस्कृती संचालनालयान 2021-22 वर्साखातीरचे गोंय राज्य उत्कृश्ट ग्रंथालय आनी उत्कृश्ट ग्रंथपाल पुरस्कांर जाहिर केल्यात.

पाटो-पणजी हांगा संस्कृती भवनातल्या मल्टिपर्पज हॉलांत 10 मे 2022 दिसा सांजेच्या 4.30 वरांचेर आयोजीत करपात येवपी कार्यक्रमात हे पुरस्कांर भेटोवपात येतले.

कला आनी संस्कृती मंत्री श्री. गोविंद गावडे पुरस्कांर वितरण कार्यक्रमाक मुखेल सोयरे आसतले जाल्यार  कला आनी संस्कृती सचीव श्री. संजय गिहार मानाचे सोयरे आसतले.

फर्मागुडी फोंडेच्या गोंय अभियांत्रिकी महाविद्यालयाच्या ग्रंथालयाक उत्कृश्ट ग्रंथालय आनी कृष्णदासा श्यामा मध्यवर्ती ग्रंथालयाच्यो श्रीमती मारिया एना पायवा आनी गोंय विद्यापिठाच्या ग्रंथालयाचे डॉ. विक्रांत पी. मालवणकर हांकां  उत्कृश्ट ग्रंथपाल पुरस्कांर जाहिर जाला..

उत्कृश्ट ग्रंथालय पुरस्कार रोख 50,000/- रूपयां, प्रमाणपत्र आनी उत्कृश्ट ग्रंथपाल पुरस्कांर रोख 25,000/- रूपया आनी प्रमाणपत्र स्वरूपात भेटयतात.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/328

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji